## राष्ट्रीय खबरो १३.०१.२०२६ @ ८.४0 AM

मुखेल खबरो

- डिजिटल इंडियाचो संगम, स्टार्टअपांची वाड आनी तरणाट्यांचो सहभाग देशाचो फुडार घडयता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- फाल्यां सावन भारतांत नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल देशांच्या २८वी परिषद (CSPOC) चे आयोजन केला
- भारत आनी जर्मनीन 19 म्हत्वाचे समजिकायेच्या कबलातींचेर सय करून आठ म्हत्वाचीं घोशणां केलीं,
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं नवी मुंबयंत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरान युपी वॉरियर्साक णव विकेटींनी हारयले .

### फुडारी संवाद 240

डिजिटल इंडियाचो संगम, स्टार्टअपांची वाड आनी तरणाट्यांचो सहभाग देशाचो फुडार घडयता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या 'विकसीत भारत तरणाटे फुडारी संवाद 2026' च्या निरोप अधिवेशनांत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें कि देशांतले सृजनशील आनी तंत्रगिन्यानाचेर आदारिल्ले क्षेत्र तरणाटे नवनिर्माते आनी उद्देजकांक लागून नेटान वाडत आसात. डिजिटल इंडियान निर्मात्यांचो एक नवो समुदाय तयार केला आनी संस्कृताय, आशय आनी सृजनशीलताय हांचो आस्पाव आशिल्ल्या 'ऑरेंज अर्थवेवस्थेच्या' अपूर्व वाडीक इंधन दिला अशें तांणी सांगलें. 2027 वर्सा देशाची स्वातंत्र्याची शंबर वर्सां पुराय जातली तेन्ना आयच्या तरणाट्यांच्या जिवितांतलो हो सगळ्यांत म्हत्वाचो काळ आसतलो अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी अधोरेखित केले. तांची तांक भारताची तांक जातली आनी तांचो यश भारताच्या यशाक नव्या उंचायेर व्हरतलो अशें तांणी सांगलें.

‘युवा फुडाऱ्यांचो संवाद’ हो एक इतिहासीक आनी अद्‌वितीय उपक्रम, जो थोड्याच काळांत व्हडली माची जाल्या हो संवाद स्वताच  एक थिंक टँक जाला, तातूंतल्यान भारताची ‘जनरेशन झी ’ सृजनशीलतेन भरिल्ली आसा अशें मोदी हांणी सांगलें.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी स्टार्टअप इंडिया, डिजिटल इंडिया, ईज ऑफ doing बिझनेस आनी simplification  ऑफ टॅक्स अँड compliance  अशा मुखेल सुदारणां आनी उपक्रमांचेर भर दिलो, जांणी आदीं सरकाराचो वर्चस्व आशिल्ले क्षेत्र उद्‌देजकते खातीर उक्ते करून भारताच्या स्टार्टअप क्रांतीक चालना दिल्या. सध्या देशांत हजारां वयर संरक्षण स्टार्टअप वावुरतात अशें प्रधानमंत्रानी   सांगलें. तरणाटे उद्‌देजक ड्रोन, अँटी ड्रोन प्रणाली, एआय आदारीत कॅमेरे आनी रोबोटिक्स ह्या सारक्या विंगड विंगड तंत्रगिन्यानाचेर काम करतात जें भारताच्या विस्तारीत नवनिर्माण पर्यावरण प्रणालीचें प्रतिबिंब आसा अशें तांणी सांगलें

निपाह  70

अस्तंत बंगालांत निपाह व्हायरसाचे दोन दुबावीत दुयेंती मेळ्ळे उपरांत केंद्रान राज्याक प्रभावी आळाबंदा हाडपाक मजत करपा खातीर राष्ट्रीय संयुक्त उद्रेक प्रतिसाद पंगड तैनात केला. इंडियन काउन्सिल ऑफ मेडिकल रिसर्च, एम्स कल्याणीच्या व्हाय/रोलॉजी रिसर्च अँड diagnostic  लॅबोरेटरींत आयतारा दुबावीत दुयेंती सोदले. मजगतीं, अस्तंत बंगाल सरकारान निपा व्हायरसाचो प्रसार आडावपा खातीर व्यापक प्रतिबंधात्मक उपाय चालीक लायल्यात. मुख्य सचीव नंदिनी चक्रवर्ती हांणी भलायकी सचीव नारायण स्वरूप निगम आनी हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यां वांगडा नबन्ना हांगा आपत्कालीन बसका घेवन परिस्थितीचो नियाळ घेतलो.

परिशद  50

फाल्यां सावन भारतांत नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल देशांच्या संसद अध्यक्षांच्या आणि पीठा/सीन अधिकाऱ्यांच्या atthavisavya  परिषद (CSPOC) चे आयोजन  केला.

16 जानेवारी मेरेन चलपी तीन दिसांच्या परिशदेंत 60 वयर राष्ट्रकुल आनी अर्द स्वायत्त संसदांचे अध्यक्ष आनी पीठासीन अधिकारी हाजीर आसतले. संसदीय लोकशायेच्या वेगवेगळ्या प्रकारांचें गिन्यान आनी समज वाडोवप आनी संसदीय संस्थांचो विकास करप हो हे परिशदेचो हेत आसा.

गोर 50

भारत आणि अमेरिका सध्या सुरू आशील्या व्यापार कबलातीच्या वाटाघाटीं खातीर सक्रियपणान सहभागी आसात अशे भारतातले  अमेरिकेचे राजदूत सर्जियो गोर हानी सांगले . तशेंच फुडले फेरयेचे वेपारी उलोवणी आयज जातली अशेंय तांणी जाहीर केलें. काल नवी दिल्लींत भारतांत अमेरिकेचे राजदूत म्हणून पदभार स्वीकारल्या उपरांत गोर उलयताले. भारता परस चड म्हत्वाचो भागीदार कोण ना अशें तांणी स्पश्ट केलें.

परेड 55

कर्तव्य पथार जावपी प्रजासत्ताक दिस परेड 2026 च्या पुराय गणवेश तालिमी खातीर संरक्षण मंत्रालयान फुकट पास जाहीर केल्यात. हे पास ह्या म्हयन्याचे 15 आनी 16 तारखेक मेळटले आनी फुकट बुकींग करपाक मेळटले. अंदूंच्या प्रजासत्ताक दिसाची फुल ड्रेस रिहर्सल ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक जातली . हे पास आमंत्रण संकेतथळ www.aamantran.mod.gov.in वरवीं वा आमंत्रण मोबायल ॲपा वरवीं बुक करूं येतात.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रयावेल्यान आयकतात

आता मुखावेलयो खबरो

PM 200

गांधीनगरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी जर्मनीचे चान्सलर फ्रेडरिक मर्झ हांचे मदीं जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसके उपरांत भारत आनी जर्मनीन संरक्षण, वेपार आनी तंत्रगिन्यान ह्या मळार व्हड प्रमाणांत उपक्रम जाहीर केल्यात आनी द्विपक्षीय संबंदांत नवो अध्याय सुरू केला. भारत आनी जर्मनीन 19 म्हत्वाचे समजिकायेच्या कबलातींचेर सय करून आठ म्हत्वाचीं घोशणां केलीं, तातूंत द्विपक्षीय संरक्षण उद्देगीक सहकार घटमूट करपा खातीर संयुक्त हेतू घोशणापत्र आनी वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवपा खातीर मुखेल कार्यकारी अधिकाऱ्यांच्या माचयेची स्थापणूक करप हांचो आस्पाव जाता. पत्रकार परिशदेंत उलयतना भारतीय विदेश वेव्हार सचीव विक्रम मिसरी हांणी जर्मन CHANCELLOR हांच्या भारत भेटींत संरक्षण, वेपार, कुशळटाय, हरित उर्जा आनी लोक संबंद अशा क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत करून दोनूय देशां मदीं म्हत्वाची संलग्नताय दिसून आयल्या अशे म्हणला . BYTE ग्रीन

जर्मनीन नवीकरणीय उर्जा, हरित हायड्रोजन आनी हवामानाक लवचीक अशा शारी मुळाव्या साधनसुविधांचो आदार दिवपा खातीर पाचवी आनी शाश्वत उदरगत भागीदारी खाला 1.24 अब्ज युरो निधी दिवपाची घोशणा केली. भारत आनी जर्मनी फकत अर्थीक भागीदार न्हय, तर संवसारीक शांतताय आनी स्थिरताये खातीर कटिबद्ध आशिल्लीं दोन राश्ट्रां अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. आतंकवादाच्या आड झुजपाक दोनूय राश्ट्रांचे एकमत आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें. BYTE टेरर

वाडिल्ल्या संयुक्त नौदल आनी हवाई दळाच्या सरावा सयत हे खोलायेन जावपी लश्करी संबंद भारताक संरक्षण विविधताय हाडपाक मदत करतले हाचेर मर्झ हांणी भर दिलो.

लोहरी 20

लोहरी हो कापणीचो उत्सव आयज मनयतात. हो उत्सव मुखेलपणान पंजाब, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश आनी भोंवतणच्या वाठारांनी मनयतात. कापणी केल्ल्या पिकलेल्या धान्याची खोस ह्या उत्सवावरवी मनयतात.

WEATHER 40

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी पंजाबांत दाट ते सामके दाट धुकें आशिल्ल्यान 'रेड अलर्ट' जारी केला. हिमाचल प्रदेश, झारखंड, ओडिशा, राजस्थान, अस्तंत उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी पंजाब हान्गाय कांय वाठारांनी थंड ल्हार येवपाची शक्यताय आसा.

स्पोर्ट्स 15

बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं नवी मुंबयंत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरान युपी वॉरियर्सांक णव विकेटींनी हारयले .

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- डिजिटल इंडियाचो संगम, स्टार्टअपांची वाड आनी तरणाट्यांचो सहभाग देशाचो फुडार घडयता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- फाल्यां सावन भारतांत नवी दिल्लींत राष्ट्रकुल देशांच्या २८वी परिषद (CSPOC) चे आयोजन केला
- भारत आनी जर्मनीन 19 म्हत्वाचे समजिकायेच्या कबलातींचेर सय करून आठ म्हत्वाचीं घोशणां केलीं,
- बायलांच्या प्रिमियर लीग क्रिकेटांत काल रातीं नवी मुंबयंत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरान युपी वॉरियर्सांक णव विकेटींनी हारयले .

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो

आकशवणी पणजी केंद्राचे मुखावेले र□ष्ट्रीय खबरप□त्र तुमक□aykunk मेळतले स□ांजेच्य□ा वर□तीस मीनट□ांचेर नमस्क□ार